**Panaji Regional**

**29 April 2026** **7.20PM**

1. गोंय मनीसबळ उदरगत म्हामंडळाच्या जोडपालवान आयोजीत केल्ल्या वेर्णा उद्देगीक इस्टेटांत जाल्ल्या मेगा नोकरी मेळाव्यांत 25 कंपनींनी वांटो घेतलो.
2. कोयर कर घेवपी पंचायतींक कमी पडपी आर्थिक मजत सरकार दितलें अशी घोषणा मुखेलमंत्री डॉ. सावंत हाणी केल्या.
3. गोंय ए.आय मसुदो धोरण 4 मे 2026क भौशीक मळार उक्ते करतले अशें यज म्हायती आनी तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खवंटे हांणी जाहीर केलां.
4. उत्तर गोंयचो खासदार तशेंच केंद्रीय वीज आनी नवीकरणीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी एमपी निधी उदरगत येवजणे खाला श्री शांतादुर्गा विद्यालय, पिर्णा -बार्देस हांकां 'बलरथ' दिलया.

गोंय मनीसबळ उदरगत म्हामंडळाच्या जोडपालवान आयोजीत केल्ल्या वेर्णा उद्देगीक इस्टेटांत जाल्ल्या मेगा नोकरी मेळाव्यांत 25 कंपनींनी वांटो घेतिल्लो. ह्या कॅम्पावरवी सुमार 1300 रोजगार दिला अशें मुखेलमंत्री डॉटर प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

मुखेलमंत्री डॉटर प्रमोद सावंत **Goa Occupational Safety and Health Expo & Summit 2026** च्या उक्तावण सुवाळ्यावेळार उलयताले. ह्यावेळार गोंय काराखाने आनी बाश्पक खात्याचे मंत्री निळकंठ हळर्णकार , तशेंच गोवा चेम्बर ऑफ कोमर्स अण्ड इंडंस्टीची अध्याक्षा प्रतिमा धोंड, आनी महाराश्ट्र सरकाराचे आकाश फुंडलकार हाजीर आशिल्ले.

उद्देगिक मळका घटमुट करपाखातीर कामगारांक सुरक्षितताय, आनी प्रशिक्षित कामगार तयार करुन विकसित भारताक हातभार लावपाक मजत जातली अशे महाराश्ट्राचे कामगार मंत्री आकाश फुंडलकार हाणी म्हळा. महाराश्ट्र सरकारान उद्देगिक परवाने ऑनलायन पध्दतीन दिल्यान कामात वेग आयला अशे तांणी सांगलें. कामगारांक तांच्या कामाचो योग्य मोबदलो मेळचो म्हण महाराश्ट्र सरकारान महत्वाची पावला उबारल्यात. ही कार्यावळ ताळगांवा श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमाचेर जाली, तशेंच ही कार्यावळ दोन दिस चलतली.

दरेक पंचायतींतल्यान सॅनिटरी पॅड, 'diapers' ,सारको कोयर दर दोन दिसांनी एकठांय करपाचे काम सुरु जातले. तशेचं चिकन आनी मटनाचो कोयर पोल्ट्री असोसिएशन एकठांय करतले. कोयर कर घेवपी पंचायतींक कमी पडपी आर्थिक मजत सरकार दितलें अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. विकसित गोंय पंचायत संमेलनांन, पणजे कला अकादमीत आयोजित कार्यावळीत ते उलयताले. म्हजो गाव नितळ आसचो म्हण हर एकल्यान जवाबदारीन वागचे अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी केला.

जाल्यार मे महिन्यामेरेन दर पंचयातीक टेक्निकल असिटंन्ट दितले अशी घोसणा पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी केला. कांय पंचायती बऱ्यो काम करता, मात कांय पंचायतीच्या कामाकाजाविंशी तशे पळोवपाक मेळना अशे मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी म्हणला. गोंयचे गोंयपण ताच्या गावांनी आसा. ते तिगोवन दवरचे अशे ह्यावेळार माविन गुदिन्हो हांणी सांगलें.

कारापूर - सर्वणच्या ग्रामस्थांनी कूळ वा मुंडकार जागेविशी जी किदें कागदपत्रां आसा, ती तांणी मामलेदारांकडेन सादर करची. कागदपत्रांचेर आधारीत फावो तो हक्क मुंडकारांक मेळटलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. कारापूर - सर्वणच्या ग्रामस्थांनी आजून मेरेन कसलीच कागदपत्रां मामलेदारांकडेन सादर करूक ना. हाका लागून तांचे हक्काविशी आजून मेरेन कसलोच निर्णय जावंक ना, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. कारापूर - सर्वणचे ग्रामस्थ फाटले कितलेशेच दीस पंचायती मुखार धरणा आंदोलन करतात. पंचायत वाठारात लोडाच्या घरनिर्माण प्रकल्पाक तांचो विरोध आसा. हो प्रकल्प रद्द करचो अशी तांची मागणी आसा. आंदोलन करपी ग्रामस्थांनी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे कडेन चर्चा केल्ली.

गोंवा ए.आय मसुदो धोरण 4 मे 2026 ह्या दिसा लोकांच्या सुचोवणेखातीर भौशीक मळार उक्ते करतले अशें आयज म्हायती आनी तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खवंटे हांणी जाहीर केलां. हो मसुदो राज्य पोर्टल आनी आयटी खात्याच्या संकेतथळार 15 दिसां खातीर उपलब्ध आसतलो. हे विशीं उलयताना मंत्री खवंटे हाणी म्हटलें.. (Byte)

उत्तर गोंयचो खासदार तशेंच केंद्रीय वीज आनी नवीकरणीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी एमपी निधी उदरगत येवजणे खाला श्री शांतादुर्गा विद्यालय, पिर्णा -बार्देस हांकां ‘बलरथ’ शाळा बस दिलया. राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तनावाडे, उत्तर गोंय जिल्होधिकारी अंकित यादव, थळावे प्रतिनिधी आनी विद्यार्थी हांच्या हाजिरेंत ही कार्यावळ जाली.

ह्या वेळार उलयतना मंत्री श्नायक हांणी सांगलें की, विद्यार्थ्यां खातीर शिक्षणीक मुळावी बांदावळ घटमूट करपाक सरकार कटिबद्ध आसा अशें मंत्री श्रीपाद नायक हांणी सांगलें.

भारत हो विविधतायेचो देश. दर एका राज्याची संस्कृताय वेगळी आसता. आयचे तरणाटे पिळगेक हे संस्कृतायेची वळख आसप म्हत्वाचें अ ासा कांय जाण गोंयची संस्कृताय अस्तंती आसा अशी जायरात करताना दिसतात. फकत दर्यादेग आनी कॅसिनो हांचे विशीं गोंयच्या संदर्भांत उलयतात.

गोंयची ही प्रतिमा मिटोवन गोंयची खरी संस्कृताय देशांतल्या आनी परदेशांतल्या लोकां मेरेन पावोवप गरजेचें अशें कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हांणी सांगलें. कला आनी संस्कृती खात्यान आयज एक भारत, श्रेष्ठ भारता खाला भारतीय लोक आनी आदिवासी नृत्य कार्यावळ रवींद्र भवन,  मडगावा आयोजीत केली.

२०२६-२०२८ शिक्षणीक वर्सा खातीर राज्यांतल्या बी.एड. अभ्यास क्रमाखातीर उच्च शिक्षण संचालनालयान ऑनलायन प्रवेश प्रक्रिया जाहीर केल्या. हे प्रवेश निर्मला इन्स्टिट्यूट ऑफ एज्युकेशन, पणजे, जीव्हीएमचें कॉलेज ऑफ एज्युकेशन, फोंडा, आनी पीईएस कॉलेज ऑफ एज्युकेशन, फोंडा खातीर असतलें.

सदर  तपशील डीएचईच्या संकेतथळार उपलब्ध आसा. मार्च 2026 वर्सा जाल्ले गोंय विद्यापीठ प्रवेश क्रमवारी चांचणेंत वैध क्रमांक मेळिल्ल्या उमेदवारांक हांगा अर्ज करपाक मेळटले. ऑनलायन अर्ज पोर्टल ३० एप्रील ते ११ मे २०२६ मेरेन उक्तें आसतलें.

आकाशवाणी पणजी केंद्राचा खबरा विभागा वरवी 'वृत्तनिवेदकाच्या' पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. ताची पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची.

अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे २०२६ आसा . ह्या पदाखातीर कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आर एन यू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा **rnuairpanaji[at]gmail[dot]com** ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

हवामान खात्यान दिलेल्या म्हायतीनुसार, आयज पणजे चडान-चड तापमान 35.0°C, जाल्यार उण्यात उणे तापमान 28.6°C असल्याची नोंद जाल्या.

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत आयज मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत मुंबय इंडियन्स आनी सनरायसर्स हैदराबाद हांचे मदीं सामनो जातलो. सांजवेळा 7:30 वरांचेर हो सामनो सुरू जातलो.